# दिव्यांगांक फुकट साधनां आनी उपकरणां दिवपाक सरकार कटिबद्ध आसा : मुख्यमंत्री

ता. 18 जुलय 2024

दिव्यांगांक गरजेची साधनां आनी उपकरणां फुकट दिवपाक सरकार कटिबद्ध आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सचिवालयांत हिंदुस्तान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेडच्या समाजीक बांदिलकी उपक्रमा खाला दिव्यांग व्यक्तींक निओ फ्लाय आनी निओ बोल्ट कंपनीच्या वट्ट 32 इलेक्ट्रिक टू-व्हीलरांचे वाटप केल्या उपरांत उलयतना सांगलें.

तशेंत मुख्यमंत्र्यान संजय स्कूल फॉर स्पेशल एज्युकेशन सेंटरातल्या विशेश विद्यार्थ्यांक 'आवाजाची सुविधा आशिल्ल्या 12 टॅब्लेटचे वाटप केले.

दिव्यांग व्यक्तींक मजत केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यांन एचपीसीएलचे उपकार मानले आनी रेट्रोफिट आधुनिक इलेक्ट्रिक दुचाकीक लागून दिव्यांग व्यक्तींच्या जीणेत स्वालंबन आनी सुलभता येवन तांच्या जीणेत सुदारणा जावपाक मदत जातली, अशें सांगलें.

समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी समाजीक बांदिलकीच्या उपक्रमा खातीर HPCL पेट्रोलियमचे उपकार मानले आनी शारीरिकदिश्ट्या दिव्यांग आशिल्लें मोबाईल शॉप मालक इरफान हांचे उदाहरण दिवन रेट्रोफिट केल्ल्या दुचाकीक लागून दिव्यांग व्यक्तींचे प्रवास करतना दुसऱ्याचेर अवलंबून रावपाचे कशा तरेन कमी जातले आनी स्वावलंबी जावपाक मदत जातली, हे विशीं पटोवन दिले.

ह्या वेळार विधानसभेचे सभापती श्री रमेश तवडकर, आमदार डॉ. देविया राणे, श्री चंद्रकांत शेट्ये, श्री प्रेमेंद्र शेट, श्री दिगंबर कामत, श्री दाजी साळकर, समाज कल्याण सचीव श्री ई. वल्लावन, गोंय राज्य दिव्यांग आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर, गोंय राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयोगाचे सचीव श्री ताहा हाजिक, कंपनीचे कार्यकारी संचालक श्री राजीव गोयल, सरवेवस्थापक पेंडर बाबा, वेवस्थापक श्री शशांक तिवारी, कु. श्रुती पालन आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/321

--
---------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.